**Panaji national news 27 March 2026,6.30pm**

**राष्ट्रपती**

केंद्रीय वीज अभियांत्रिकी सेवा (सीपीईएस) आनी भारतीय अर्थीक सेवा (आयईएस) हांच्या अधिकाऱ्यांनी आयज राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची भेट घेतली. अधिकाऱ्यांक संबोधीत करतना राष्ट्रपती हांणी सांगलें, देशाचा उदर्गतीन ते मुखार उबे आसात, आनी तांच्या निर्णयांक लागून एक बळिश्ट आनी आत्मनिर्भर भारत तयार करपाक मदत जातली. समावेशक आनी टिकावू उदरगतीक चालना दिवपी धोरणां तयार करपाक आनी सुदारणां चालीक लावपाक तांची म्हत्वाची भुमिका आसतली अशें राष्ट्रपतीनी सांगलें. समर्पण आनी उमेदीन काम करपाचो सल्लो राष्ट्रपतीनी तांका दिलो.

**बलेंद्र शाहा**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी श्री बलेंद्र शाहा हाणी नेपाळाचो प्रधानमंत्री म्हूण सोपूत घेतिल्ल्यान परबीं दिल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी सांगलें, हे नेमणुकेंतल्यान नेपाळांतल्या लोकांनी श्री शाह हांच्या फुडारपणाचेर दाखयील्ले विस्वास दिसून येता. दोनूय राश्ट्रांच्या नागरिकांच्या परस्पर फायद्या खातीर भारत-नेपाळ इश्टागत आनी सहकार्याक आनीक उंचायेर व्हरपा खातीर नेपाळचे प्रधानमंत्री शाहा हांचे वांगडा लागींच्यान वावुरपाची आस्त बाळगता अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

**130 अर्थमंत्री**

केंद्र सरकारान देशांतल्या वापरा खातीर पेट्रोल आनी डिझेलाचेर दरेक लिटराक 10 रुपया केंद्रीय अबकारी कर उणो केला. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाक लागून हो निर्णय घेतला अशें सांगलां. हे चालीक लागून गिरायकांक दर वाडपा पसून थाकाय मेळटली अशें मंत्री सीतारमण हांणी सांगलें.डिझेलाचे निर्यातीचेर दर लिटराक 21.5 पैशे आनी एव्हिएशन टर्बाइन इंधनाचेर दर लिटराक 29.5 पैशे प्रति लिटर शुल्क आकारला

जाका लागून देशांतल्या वापरा खातीर ह्या उत्पादनांची फावो ती उपलब्धताय मेळटली अशें तिणें फुडें सांगला.

पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें, भारतांत सध्या कच्च्या तेलाची फावो ती सामुग्री आसा, फुडल्या दोन म्हयन्यां खातीर पुरवण सुरक्षीत आसा आनी एलपीजी आनी पीएनजी उपलब्धताय मुबलक प्रमाणन आसा.. शुध्दीकरण कारखाने पुराय वा चड क्षमतेन काम करतात, जाल्यार देशांतल्या एलपीजी उत्पादनांत सुमार 40 टक्क्यांनी वाड जाल्या अशें तिणें सांगलें.

केंद्र सरकारान राज्यांचें व्यवसायीक वाठरातले एल.पी.जी.चें वाटप 70 टक्क्यां मेरेन वाडोवपाचें थारायलां, तिखें, मोटारी, कापड आनी हेर कामगार उद्देग ह्या उद्देगांक 20% वाटप करतले . ही घोशणा करतना सोशल मिडियाचेर केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें, वेपारी एल.पी.जी.ची पुरवण सोंपें करपाचो हेत आसा. ज्या उद्देगांक पायपातल्यान gas उपलब्ध करपाचो पर्याय ना, तांकां प्राधान्य दितले अशें तांणी सांगलें.

**तुंगुस्का हवाई संरक्षण**

संरक्षण मंत्रालयान आयज तुंगुस्का हवाई संरक्षण क्षेपणास्त्र प्रणालीची खरेदी आणि पी 8 आय, लांब पल्ल्याच्या सागरी टेहाळणी विमानांच्या तपासणेखातीर ८५८ कोटी रुपयांच्या कबलातीचेर  स्वाक्षरी केली. संरक्षण सचिव राजेश कुमार सिंह हांचा हजेरेन, रशियाच्या जेएससी रोसोबोरॉन एक्सपोर्ट वांगडा  ४४५ कोटी रुपय किमतीच्या तुंगुस्का हवाई संरक्षण क्षेपणास्त्र प्रणालीच्या खरेदीच्या कबलातीचेर स्वाक्षरी केली.

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळान इंडियन प्रीमियर लीग (आय पी एल) २०२६ च्या दुसऱ्या टप्प्याचे वेळापत्रक जाहीर केला. दुसऱ्या पवाद्यार बंगळूर, मुंबई, चेन्नई, कोलकाता आणि दिल्लीवांगडा १२ शरांनी ५०  खेळ जातले, जे १३ एप्रिल ते मे या कालावधीत आसातले.

दुसऱ्या पावद्यार आठ डबल-हेडर सामने आसातले . आयपीएलच्या पहिल्या पवाद्यक फाल्या सुरुवात जातली, जातून  फाटले विजेते रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर आणि सनरायझर्स हैदराबाद  हांचामधी,बंगळूर हांगा  एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमचेर  खेळ जातलो.

**हवामान**

भारत हवामान खात्यान आयज उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, आसाम, मेघालय आनी सिक्किम हांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन बिहार, झारखंड, ओडिशा, तेलंगणा आनी उत्तराखंड हांचेर गडगड, जोगला आनी वादळ वारें येवपाचो अदमास हवामान एजन्सी कडल्यान सांगला. आंध्र प्रदेश, छत्तीसगढ, उदेंत राजस्थान, उदेंत उत्तर प्रदेश, आंतरीक कर्नाटक, मध्य प्रदेश आनी विदर्भाचेर अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.